Panaji Regional

20th June 2025 7.25am

रश्मि 130

आंतरराश्ट्रीय योग दिसाच्या फांटभुयेर काल  मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी योग दिसाच्या कार्यावळीच्या तयारेचो नियाळ घेवपाक पर्वरे मंत्रालयात बसका घेतली. हयावेळार सामाजिक आनी योग मळार काम करपी संस्था, तशेंच वेगेवगळ्या सरकारी विभागाचे प्रमुख अधिकारी हाजीर आशिल्ले. स्वस्थ भारत सशक्त भारत, आनी स्वस्थ गोंय सशक्त गोंय करपाक  जाणट्या तशेचं नेणट्या गोंयकारांनी ह्या योग दिसाच्या कार्यावळीत व्हडा आकड्यान हाजेरी लावची, तशेच नित्यनेमान योग करचे अशे आवाहन मुखेलमंत्र्यान ह्यावेळार केला. गोडेमुत, रक्तदाब, पयस करपाक तशेच मानसिक शांतीकाये खातीर योग साधना केल्यार भलायेकचेर ताचो बरो परीणाम जाता, योग साधनेन बऱ्याचश्या दुयेसांक पयस करपाची ताक आसा अशे मुखेलमंत्र्यान म्हणले. गोंयांत वेगेवगल्या वाठारांनी सकाळी 6 ते 8 ह्या वेळात योगा जातली. हांतुन प्रशिक्षित योग प्रशिक्षक मार्गदर्शन करतले.योग दिसानिमतान योग करपी मनशांनी योगसंगम .कॉम ह्या संकेत थळाचेर नोंदणी करप गरजेचे आसा अशे मुखेलमंत्र्यान कळीत केला.

गणेश 30

गोविंद गावडे हांकां मंत्रिमंडळांतल्यान काडपाचो निर्णय हो पुरायपणान म्हजो आसा, अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी म्हणला. नव्या मंत्र्याची नियुक्ती वा शपथविधी विशीं आजूनय निर्णय जावंक ना, अशेंय मुखेलमंत्र्यानी म्हणलें.

DIP 40

कृशी संचालनालयान कृशीकार्ड आशिल्ल्या सगळ्या शेतकारांक आपल्या आधार लिंक बँक खात्याची म्हायती संबंदीत विभागीय कृशी कार्यालयाक दिवपाची विनंती केल्या. शेतकारांनी नमुन्यातल्या अर्जा सयत बँक पासबूकाची कॉपी/कन्सल्ड चेक संबंदीत विभागीय कृशी कार्यालयांत सुपुर्द करचो. ते खातीर आधार कार्ड बँक खात्याक जोडप आवश्यक आसा.

सुभाष 110

११ व्या आंतरराष्ट्रीय योग दीसा निमतान २१ जुनाक योग संगम कार्यावळीवरवी देशभर सकाळीं साडे स ते पावणे आठ मेरेन १ लाखां परस चड योग कार्यावळी घडोवन हाडटले. ' योग फॉर वन अर्थ वन हेल्थ ह्या मध्यवर्ती संकल्पनेखाला ही कार्यावळ यशस्वी करूंक शाळां महाविद्यालयांनी सहकार्य करचें अशें आवाहन राज्य शिक्षण संचालनालयान केलां. सगळ्या अनुदानीत आनी सरकरी माध्यमिक आनी उच्च माध्यमिक शाळांनी केंद्र सरकारच्या आयुश पोर्टलाचेर वचून आपआपल्या योग कार्यावळींची म्हायती दिवंची अशें मागलां. आंतरराष्ट्रीय योग दीसा सकाळी साडे स वरां सावन प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांचे भाषण आसतलें तांचे लायव्ह प्रसारण विद्यार्थ्यांक दाखोवपाची वेवस्था करची अशें शिक्षण संचालकांनी मागलां. २१ जून दिसाच्या योग कार्यावळी उपरांत फोटो सयत ल्हानसो अहवाल आयुश पोर्टलाचेर अपलोड करचो अशेंय राज्य शिक्षण संचालनालयान सांगला

Kala Academy – 70

कला अकादमीच्या हिंदुस्थानी संगीत आनी नृत्य विभागा वतीन जागतिक योग दिस आनी जागतिक संगीत दिसाच्या निमतान शेनवारा २१ जूनाक "प्रतिमा" ह्या मासिक संगीत सभेचे आयोजन केला. कला अकादमीच्या कृष्ण कक्षात दनपारा साडे तिनांक मानेस्तांच्या हस्तुकीं दीपप्रज्वलनान कार्यावळीचे उक्तावण जातले. त्या उपरांत कार्यक्रमाची सुरुवात उगम सावंत हांच्या शास्त्रीय गायनान जातली. हि

कार्यावळ सगळ्या खातीर उक्ती आसा. सगळ्या संगीत रसिकांनी कार्यावळीक उपस्थित रावचे अशे हिंदुस्थानी संगीत आनी नृत्य विभागा वतीन कळीत केला.

DDK Yoga – 30

पणजी दूरदर्शन केंद्रांन आंतरराष्ट्रीय योग दिसा निमतान आज २० जुनाक सकाळी ११ ते १२ मजगती आपल्या स्टुडीयोत कर्मचाऱ्याखातीर योग कार्यावळीचे आयोजन केला. समरपण परिवाराच्यो झोनल आचार्य लथा शेट्टीगर ह्या कार्यावळींत मार्गदर्शन करतल्यो.

Weather – 30

गोय वेधशाळेनं उक्तायल्ल्या आदामासा प्रमाण गोयांत आज चडान चड तापमान ३२ degrees celcius आनी उण्यांत उणे तापमान २६ degrees celcius इतले आसतले. उत्तर आनी दक्षिण गोंयात काय सुवातींनी उटनगराच्या पावसाचो अदमास वेधशाळेन उक्तायला.

Cricket – 60

भारत आनी इंग्लंड हांचे मदीं पांच मॅचींची कस लावपी क्रिकेट खेळा माळ आज सुरू जाता. पयली मॅच लीड्सांतल्या हेडिंगली क्रिकेट मैदानाचेर जातली. ही मॅच भारतीय वेळा प्रमाण दनपारां 3:30 वरांचेर सुरू जातली.